# <u>प्रजासत्ताक दीस सुवाळो</u>

ता. 22 जानेवारी 2021

कांपालार बालभवना सामकारच्या परेड मैदानाचेर 26 जानेवारी 2021 दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर जावपी राज्य पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो ह्वबोवन मानवंदना दितले आनी जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

तशेंच राज्यांत साबार कडेन जिल्हा आनी तालुका पांवड्याचेरय प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याचे आयोजन जातले. मडगांवा जिल्हा पावंड्यावयल्या कार्यक्रमात उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर, फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, म्हापसा हांगा विज्ञान आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्री. मायकल लोबो, वास्को हांगा पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्य, सांग्यार नगर विकासमंत्री श्री. मिलिंद नाईक, काणकोणा उपसभापती श्री. इजिदोर फर्नांडिस, पेडण्या उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, केपे हांगा वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल, दिवचले सभापती श्री. राजेश पाटणेकर आनी धारबांदोड्या भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक पावसकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो ह्वबयतले. वाळपय हांगा जावपी प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात उपजिल्हाधिकारी राष्ट्रीय तिरंगो ह्वबयतले.

सांजवेळा 5.15 वरांचेर दोनापावला राजभवनार येवकार सुवाळो जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/104

--
Issued by Department of Information & Publicity